Panaji National 10th August 2025 6.30pm

PM – 110

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज बेंगळुरूंत गतिशीलता वाडोवपा खातीर जायत्या प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली. मोदी हांणी बेंगळुरू आनी बेलगावी हांचे मदीं वंदे भारत रेल्वे सेवेचे उक्तावण केले. अमृतसर आणि कटरा आणि नागपूर ते पुणे या वंदे भारत रेल्वे सेवांचे तांणी व्हर्च्युअल रित्या उक्तावण केले. बऱ्या प्रवासाच्या अनुभवा खातीर वंदे भारत गाड्यो जागतिक दर्जाच्या सुविधांनी सुसज्ज आसात. बेंगळुरू- बेलगावी वंदे भारत रेल्वेक लागून उत्तर कर्नाटक आनी राज्याची राजधानी हांचे मदीं संपर्क वाडटलो. प्रधानमंत्र्यांनी बहुप्रतिक्षित नम्मा मेट्रो स्टेशनच्या यलो लाईनिक पाचवो बावतो दाखयलो, जी बोम्मासांद्रा औद्योगिक क्षेत्राक इलेक्ट्रॉनिक सिटी कडेन जोडता.

PM Bangalore – 60

देशवासीयांच्या सक्रिय सहकार्यान 2047 मेरेन भारताक विकसीत देश करपाचो आपल्या सरकाराचो हेत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदीन स्पश्ट केला. ते आयज बेंगळुरूंत नम्मा मेट्रोच्या तिसऱ्या टप्प्याचें उक्तावण केल्या उपरांत उलयताले. तांणी आपल्या उलोवपांत भारताच्या विकासाच्या प्रवासाखातीर थारायिल्ल्या मापदंडांचो उल्लेख केलो. तंत्रगिन्यानाचे केंद्र आशिल्ल्या बेंगळुरू सारक्या शारांक मेट्रो रेल्वेचो फायदो जातलो आनी ताका लागून मुळावी बांदावळ आनी गतिशीलता सुदारतली अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

Mah – 90

नागपूर-पुणेच्या एका व्यस्त मार्गाचेर वंदे भारत गाडी उपलब्ध करून दिल्ल्या खातीर महाराष्ट्राच्या मुख्यमंत्र्यान प्रधानमंत्री आनी रेल्वे मंत्र्याचे उपकार मानल्यात. केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी आनी मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस आयज नागपूर रेल्वे स्टेशनाचेर वंदे भारत रेल्वेच्या व्हर्च्युअल फ्लॅगिंग ऑफ सुवाळ्या खातीर हाजीर आशिल्ले. राज्यांतली ही आतां मेरेनची बारावी आनी नागपूर खातीर चवथी वंदे भारत ट्रेन.

वंदे भारताच्या ट्रायल रनाचो अणभव घेवपाक व्हड प्रमाणांत शाळेचे विद्यार्थी आनी नागरिक हाजीर आशिल्ले. केंद्रीय मंत्री नितीन गडकरी आनी मुख्यमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांणी विद्यार्थी आनी प्रवाशां कडेन संवाद सादलो आनी वंदे भारत रेल्वेचीय पळोवणी केली.

CDS – 50

ऑपरेशन सिंदूर हे तिनूय सेना मधल्या समन्वय आणि कार्यान्वयन एकात्मकतेचे प्रतीक आसा अशे प्रमुख रक्षा अध्यक्ष-सीडीएस जनरल अनिल चौहान हाणी आज सांगले. जनरल चौहान सिकन्दराबादात 21 व्या उच्च संरक्षण व्यवस्थापन अभ्यासक्रमाच्या सहभाग्यांक आनी संरक्षण व्यवस्थापन महाविद्यालयातल्या वरिष्ठ अधिकाऱ्यांक उद्देशून उलयताले. सशस्त्र दळांत एकात्मतेबाबत धोरणात्मक दृष्टिकोन तांणी मांडलो.

Prez – 25

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हाणी आज राष्ट्रपती भवनात भारताचे आदले राष्ट्रपती व्ही. व्ही. गिरी हांच्या जयंती निमतान तांका पुष्पांजली अर्पण केली. व्ही.व्ही. गिरी हे भारताचे चौथे राष्ट्रपती आशिल्ले.

IMD – 60

फुडल्या स-सात दिसांक उप-हिमालयन अस्तंत बंगाल, सिक्किम, बिहार, मेघालय आनी अरुणाचल प्रदेशांत मुसळधार पावस पडपाची शक्यताय आसा अशें हवामान

खात्यान सांगलां. हवामान खात्यान उत्तराखंड आनी हिमाचल प्रदेशा खातीरय फुडल्या सात दिसांक असोच अदमास उक्तायला. हवामान खात्यान दिल्ले म्हायती प्रमाण आयज हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, पंजाब, उत्तर प्रदेश आनी अस्तंत मध्य प्रदेश सयत देशाच्या उत्तर आनी मध्य वाठारांनी दाट उटनगराची शक्यताय आसा.

Mandviya –60

युवा वेव्हार आणि खेळा मंत्री मनसुख मांडविया हाणी आज सांगले, संडे ऑन सायकल मोहिमेक लागून फिट इंडिया मोहिमेक  एका मोठ्या चळवळीत रूपांतरित जावपाक मदत जाल्या. राष्ट्रीय राजधानींत संडे ऑन सायकल फिट इंडिया कार्यावळींत वांटो घेतना तांणी अशें सांगलें. आतां मेरेन देशभरांतल्या 50 हजारां परस चड गांवांतल्या पंचायत प्रतिनिधींनी ह्या कार्यावळींत वांटो घेतला आनी फिट इंडियाचो संदेश पातळायला अशी म्हायती मांडवीया हाणी दिली.

Surfing – 15

तमिळनाडूच्या महाबलीपुरमांत जाल्ल्या आशियाई सर्फिंग चॅम्पियनशिपांत दादल्यांच्या विभागांत कांस्य पदक जिखपी रमेश बुढियाल हो पयलो भारतीय थारला.